# दिवचलच्या सरकारी तंत्रनिकेतनात एनर्जी4गुड तंत्रज्ञान केंद्राचे उक्तावण

ता. 27 ऑक्टोबर 2026

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज दिवचलच्या सरकारी तंत्रनिकेतनात एनर्जी4गुड तंत्रज्ञान केंद्राचे उक्तावण केले. विद्यार्थ्यांक प्रात्यक्षिक प्रशिक्षण आनी उद्देग संबंदीत कुशळटाय प्रदान करपाखातीर सिमेन्स एनर्जी इंडिया लिमिटेडान आपल्या कॉर्पोरेट सोशल रिस्पॉन्सिबिलिटी (CSR) उपक्रमांतर्गत हे स्थापन केल्ले आसून त्या खातीर 1.10 कोटी रूपया खर्च केल्यात.

गोंयांतल्या सरकारी पॉलिटेक्निक संस्थेंतले हे अशा तरेचे पयलेच केंद्र आसून, तांत्रिक शिक्षणाच्या कुशळटायेवरवीं उद्देगांच्यो गरजो पुर्ण करप हे ह्या केंद्राचें उद्दीश्ट आसा. ह्या केंद्रातल्या प्रशिक्षणावरवीं विद्यार्थ्यांक वेव्हारीक अणभव मेळपाक आनी आवश्यक कुशळटाय विकसीत करपाची संद मेळटली, जी तांकां रोजगारा खातीर तयार जावपाक आनी तांचे करिअर घडपाक मजत जातली.

ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी एनर्जी4गुड टेक्नॉलॉजी सेंटर विद्यार्थ्यांमदी कुशळटाय वाडोवपाक आनी शिक्षणीक संस्था आनी उद्देगांमदी सहकार्य वाडोवपाक तशेंच विद्यार्थ्यांक वेव्हारीक आनी उद्देगीक कुशळटायेची क्षमता वाडोवपाक आनी बऱ्यो करिअर संधी मेळपाक मजत जातली अशें सांगलें.

डॉ. सावंत हांणी गोंयच्या युवकांची कुशळटाय क्षमता वाडोवपाक आनी कुशळ मनीसबळ तयार करपाक गुंतवणूक केल्लेखातीर सिमेन्स एनर्जी इंडिया लिमिटेडची तोखणाय केली. उद्देगांच्यो गरजो पुर्ण करपाक तरणाट्यांक योग्य कुशळटाय आनी वेव्हारीक ज्ञान दिवपाची गरजा आसून अशा उपक्रमावरवीं विकसीत गोंय 2037 आनी विकसीत भारत 2047 च्या उद्दीश्टाक हातभार लागतलो, अशेंय तांणी सांगलें.

ह्या वेळार तंत्रशीक्षण संचालनालयाचे संचालक श्री. भूषण सावईकर, दिवचलच्या सरकारी पॉलिटेक्निकच्यो श्रीमती प्रमोदिनी नाईक; सिमेन्स एनर्जी इंडिया लिमिटेडच्या सीएसआर उपाध्यक्षा बीना दीक्षित आनी हेर मानेस्त उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/666

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.